## मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं पणजी म्हापालिका इमारत पुर्नबांदणी खातीर बुन्यादी फातर बसयलो

ता. 4 ऑक्टोबर 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजी म्हापालिका कार्यालय इमारत पुर्नबांदणी खातीर बुन्यादी फातर बसयलो.

ताळगांवच्यो आमदार श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात, सीसीपी चे म्हापौर श्री. रोहित मोन्सेरात, उपम्हापौर श्री संजीव नाईक आनी नगरसेवक ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान पणजी म्हापालिका ही गोंयांतली एकमेव म्हापालिका आशिल्ल्याचें सांगून म्हापालिका कार्यालया खातीर नवीन आनी प्रशस्त इमारतीची गरज आसा, अशें सांगलें. ह्या इमारत प्रकल्पासाठी सुमार 75 कोटी रूपया खर्च येतलो आनी इमारतीचे बांदकाम बेगीनात बेगीन पूर्ण करपात येतले, अशें सांगलें.

इमारत प्रकल्प अडीच वर्सांनी पूर्ण जावपाची अपेक्षा आसून तळघर आनी चार माळें असो इमारतीचो डिझायन आसा, अशी म्हायती म्हापौर श्री. रोहित मोन्सेरात हांणी दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/774

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.